**आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स यंत्रणेची फाल्याच्यान खर अंमलबजावणी- गुदिन्हो**

ता. 31 मे 2023

येरादारी मंत्री श्री मॉविन गुदिन्हो हांणी आयज सचिवालयातल्या सेमिनार हॉलांत आयोजीत कार्यक्रमात पुलीस खात्याच्या येरादारी विभागाक 10 पोर्टेबल स्पीड रडार गन सुपूर्द केली.

रस्त्यार वाहन चालकांमदीं शिस्त हाडपा खातीर येरादारी पुलीस विभागावतीन सगळें तरेचे प्रयत्न करपात येता. अतिवेगान वाहन चलोवन वेगमर्यादेचे उल्लंघन करपी चालकांचेर कारवाय करपा खातीर पोर्टेबल स्पीड रडार गनाची मदत जातली. तशेंच पणजी, पर्वरी आनी हेर मुखेल सुवातांचेर बसयिल्ल्या आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स प्रणाली फाल्या 1 जूनासावन पुराय तरेन कार्यान्वीत जातली आनी येरादारीचे नेम मोडपी चालकांचेर दंडात्मक कारवाय जातली, अशें येरादारी मंत्री श्री मॉविन गुदिन्हो हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

रस्त्यावयल्या अपघातांनी मरणाचे प्रमाण वाडिल्लेखातीर हुस्को उक्तावन येरादारी मंत्र्यान 2022 वर्सा 3007 रस्तो अपघात जावन 251 लोकांक मरण आयिल्ल्याचें सांगलें. बेशिस्तपणान आनी अतिवेगान वाहन चलोवप ही अपघातांची मुखेल कारणां आसात. नवीन मोटार वाहन कायद्यात दंडाच्या रक्कमेत वाड जाल्ली आसली तरी लोक येरादारी नेमांचे उल्लंघन करतात, अशें तांणी सांगलें.

स्पीड रडार गनाविशीं म्हायती दितना तांणी सांगलें, ह्या गनात हाय डेफिनिशन कॅमेरा आसा, जो इन्फ्रारेड तंत्रज्ञानाचो वापर करून दिसाच्या वेळार 200 मीटर अंतरामेरेन आनी रातीच्या वेळार 100 मीटर अंतरामेरेन ओव्हर स्पीड वाहनांच्या नंबर प्लेटीची वळख आनी प्रतिमा कॅप्चर करता. येरादारी विभागा खातीर आनीक 70 अल्कोमीटर खरेदी करपात येतले, अशेंय येरादारी मंत्र्यान सांगलें.

येरादारी सचीव श्री सुभाष चंद्र, येरादारी संचालक श्री राजन सातार्डेकर, एसपी (येरादारी) श्री धर्मेश आंगले, श्री सुदेश नार्वेकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्री संजीव तनेजा हांणी आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स प्रणालीची म्हायती दिली.

येरादारी खात्याचे उपसंचालक श्री प्रल्हाद देसाय हांणी उपकाराचे उलवप केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/456

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.